18.02.2025 @ 7.25 am

आकाशवाणी पणजीच्या प्रादेशिक

Rashmi 120

14 वो डी. डी कोसंबी विचार महोत्सव 24 ते 28 फेब्रुवारी ह्या काळात पणजे कला अकादमीच्या मास्टर दिनानाथ मंगेशकार सभाघरात जातलो अशी म्हायती कला आनी संस्कृती खात्याचे मंत्री गोविंद गावडे हांणी दिल्या. 24 फेब्रेराक सांजेच्या साडेचार वराचेंर मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी ह्या महोत्सवाचे उक्तावण जातले. ताच्या उपरांत साडेपाच- सात वरामेरेन गौर गोपाल दास ह्या फामाद प्रेरक वक्त्याचे " नाते आनी जीण" ह्या विशयाचेंर उलोवप जातले. अल्का सरोगी ह्या नामनेच्या हिंदी लेखिकेचे .."आत्महत्या पासुन कशे वाचप "नामनेचे एडवेन्चर, तशेंच वेवसायिक आशिल्लया आदित्य गुप्ता हांचे "एवरेस्ट चडटाना अणभविल्लयो आनी जीणेत उपयोगी थारपी सात शिकवणी" जीवन व्रती पद्मश्री निवेदिता भिडे हांचे "स्वामी विवेकानंद हांचो संदेश" नौदळाचे अधिकारी हांचे "जलसफरीतल्यान जगाची भोंवडी करतना विशयाचेंर उलोवप जातले अशी म्हायती मंत्री गोविंद गावडे हांणी पत्रकार परीशदेत दिल्या.

Rashmi /PTI 145

देव आनी धर्म शाबुत आसल्यारुच देश शाबुत उरतलो ताका लागुन एकी आसप गरजेचे , आनी सनातन धर्माची संस्कृताय, देवळा, आमची ही एकी घटमुट दवरुन आसा अशे विधान मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केलाते आंध्र . प्रदेश तिरुपती देवस्थानात हांगा international temple convention and expo कार्यावळीच्या उक्तावणा वेळार उलयतालेह्यावेळार . माचेंर आंध्र प्रदेशाचे मुखेलमंत्री चंद्रबाबु नायडु, महाराश्ट्राचे मुखेलमंत्री देवेंद्र फडणवीस, स्नामी गोविंदगिरी म्हाराज तशेचं हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. ही कार्यावळ तीन दिस चलतलीजाल्यार हांतुन . 58 देशातले 1581 धर्मिक संस्थाचे प्रतिनिदीनी वाटो घेतला ह्या कनवेन्शन आनी एक्स्पो दरम्यान .

15 मार्गदर्शन सत्रात 111 धर्मिक विशयाचेर उलोवप करपी वक्त्यांनी वाटो घेतलागोंय सैमाक., गोमातेक, पुजता, गोंय फकत दर्यादेगेवेल्या पर्टनाखातीरुच न्ही जाल्यार धर्मिक पर्यटनाखातीर लेगीत फामाद आसा अशें ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान म्हणला. इतले मजगती भलायीक मंत्री विश्वजीत राणे हांणी आयज तिरुपती देवस्थानात पुर्ण कुंभ महाद्वार दर्शन घेवपी पाच मानाच्या मनशांमदी मान मेळयलोह्यावेळार . धर्मिक विधीवत विश्वजीत राणे हांणी पुजा करुन उपरांत ह्या एक्स्पोत वाटो घेतलो.

Subhash/ Prasad 45

शिव राज्याभिषेकाक साडे तिनशें वर्सां पुराय जाल्ल्यान फ़र्मागुडयेर शिवाजी महाराजांच्या जयंती कार्यावळीच्या आदल्या सांजेर फोंडा नगरपालीकेची खासा कार्यावळ शेतकी मंत्री रवी नाईक हांच्या येजमानके खाला जातली अशी म्हायती नगराध्यक्ष आनंद नायक हांणी दिली. ह्या उत्सवाक शिव मोगींनी व्हडा संख्येन हाजीर रावचें अशें आवाहन फोंडा नगरपालिकेन केलां.

Sushant 95

पुराय संवसारात गाजिल्ले खून प्रकरणत दोषी थारिल्ल्या विकट भगत हाका दक्षिण गोंयच्यो अतिरिक्त सत्र न्यायाधीश क्षमा जोशी हांणी ब्रिटीश पर्यटक डॅनियली मॅकलॉग्लीन हिचेर लैंगिक अत्याचार करुन उपरांत तिचो खून करपाच्या आरोपाखाला जल्मठेपेची ख्यास्त फर्मायली. खून आनी लैंगिक अत्याचार केल्ल्याच्या दोनूय आराेपाखाला जल्मठेप जाल्यार पुरावे नश्ट करपाच्या आराेपाखाली तीन वर्सांची सक्त मजुरी अशी ख्यास्त अासा. १४ मार्च २०१७ ह्या दिसा डॅनियली मॅकलॉग्लीन हिची कूड देवबाग - काणकोण हांगाच्या एका शेतात सापडिल्ली. तिचेर बळजबरी करुन उपरांत तिचो खून केल्ल्याचे उक्ते जाल्ले. ह्या खून प्रकरणाचा तपास काणकोणचे त्यावेळा वयले पोलीस निरीक्षक फिलोमेन कॉस्ता आनी राजन प्रभूदेसाय हांणी केल्ले.

Sushant 45

अंतरंग प्रोडक्शन या संस्थेन गोंय सरकारच्या म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्याच्या पालवान घडोवन हाडिल्ल्या दुसऱ्या ‘बुलबुल’ आंतरराष्ट्रीय बाल चित्रपट महोत्सवाक मडगावच्या रवीन्द्र भवनात सुरुवात जाली. कला आनी संस्कृती मंत्री गोविंद गावडे हांणी ह्या महोत्सवाचे उक्तावण केले. पाच दिस चल  ह्या महोत्सवात  एकूण ३२ देशांतले ६६ चित्रपट आनी लघुपट दाखयतले.

NSD 65

परीक्षा पे चर्चा 2025 चो नवो भाग आज प्रदर्शीत जातलो. ह्या एपिसोडांत शाळेंतल्या विद्यार्थ्यां खातीर परिक्षेचो ताण, चिंता, आनी दबावा खाला शांत रावपा विशीं वेगवेगळ्या बोर्ड आनी परिक्षांतले जायते टॉपर्स आपले विचार आनी टिप्स सांगतले. आपल्या सोशल मिडिया प्लॅटफॉर्माचेर आगामी व्हिडियो शेअर करतना प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणले कि, ह्या ‘परीक्षा पे चर्चा’ भागात हे परिक्षा झुजारी परिक्षेचो ताण आनी चिंतेचेर येसस्वीपणान मात करपाचे अणभव सांगतले.

Ganesh 110

शुल्क भरिनासतना वीज खात्याच्या खांब्यांक ब्रॉड बॅन्ड केबल बादिल्ले खातीर वीज खात्या वतीन वेगवेगळ्या कंपन्यांक अर्थीक दंड दिवपाची मोहीम चालूच आसा. आतां आनीक ६ कंपन्यांक दंड दिला. दरेकी ६० लाख ते ३ कोटी रुपयां मेरेन थकबाकी सयत दंडाची रक्कम भरपाची नोटीस जारी केल्या.  टेलीकॉम धोरणा प्रमाण वीज खांब्यांक केबल बांदपा खातीर आशिल्ल्या शुल्काची थकबाकी भरप गरजेचें.वर्साक दरेका खांब्याक ३०० रूपया, हे प्रमाण ५ वर्सां खातीरचें शुल्क आनी लुकसाण भरपायेची रक्कम भरपाची नोटीस जारी केल्या. कांय केबल ऑपरेटरवाल्यांनी केबल तोडपाचे गजाली आड उच्च न्यायालयांत याचिका दाखल केली.

ही याचिकाय भायर मारली. नोटीस जारी जाले उपरांत दंड वसूल करपाची जापसालदारकी संबंदीत अभियंत्यांची आसतली. दंड वसूल जावंक ना जाल्यार संंबंदीत अभियंत्यांक दंड जारी करतले, अशें कार्यकारी अभियंतो काशिनाथ शेट्ये हांणी सांगलें.

आनी ईतल्यान ह्यो प्रादेशिक  खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें सात वरा वीस मिनटांचेर.